# सैम आनी संस्कृतीचो सांबाळ करपाचो उपराष्ट्रपतीचो उलो

ता. 28 जानेवारी 2021

भारताचे उपराष्ट्रपती श्री. एम. वेंकय्या नायडू हांणी बऱ्या फुडाराखातीर सैम आनी संस्कृतीचो सांबाळ करपाचो उलो मारला. सैमाचो इबाड करचो न्हय, अशें तांणी सांगलें. उपराष्ट्रपती आयज विर्नोडा-पेडणे हांगा संत सोहिरोबानाथ आंबिये कला आनी वाणिज्य म्हाविद्यालयाच्या विस्तार इमारतीचें उक्तावण केले उपरांत उलयताले.

कार्यक्रमाक राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई, मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, केंद्रीय पर्यटन राज्यमंत्री श्री. श्रीपाद नाईक, उपमुख्यमंत्री श्री. मनोहर आजगांवकर, आमदार श्री. दयानंद सोपटे, मुख्य सचीव श्री. परिमल राय आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्लें.

गोंय आनी गोंयच्या लोकांबद्दल म्हज्या काळजात खास स्थान आसा आनी जेन्ना जेन्ना हांव ह्या सोबीत भुयेंत येता तेन्ना म्हजी भावना ताजी जाता. दर्जेदार उच्च शिक्षणाचे म्हत्व प्रतिपादन करून उपराष्ट्रपतीन विंगड विंगड क्षेत्रांक आवश्यक आशिल्ले प्रशिक्षीत मनीसबळ उपलब्ध जावपा खातीर उच्च शिक्षण म्हत्वाचे आसा आनी तशेंच सामाजीक-आर्थिक विकासाच्या वाडी  खातीरय आवश्यक आशिल्ल्याचे म्हणलें. उच्च शिक्षणातल्यान आदर्श नागरीक घडटात अशें सांगून तांणी गोंयांत उच्च शिक्षणाच्या मळार बऱ्यो साधनसुविधा उपलब्ध आशिल्ल्याचे म्हणलें.

गोंय सरकारान राष्ट्रीय शिक्षण धोरण 2020 च्या अंमलबजावणी खातीर सुरू केल्ल्या प्रयत्नांची तशेंच प्रस्तावीत गोंय राज्य रिसर्च फाउंडेशन प्रकल्प स्थापन करपाच्या  प्रस्तावाची तोखणाय करून उपराष्ट्रपतीन  अशां येवजणांवरवीं गोंयांत उच्च शिक्षणाच्या मळार नवीन उपक्रम आनी संशोधनाक प्रोत्साहन मेळटले हांची म्हाकां खात्री आसा, अशें म्हणलें.

गोंयकारांनी संवसाराक दिल्ल्या योगदानाचो उल्लेख करून उपराष्ट्रपतीन अनेक नामनेच्या भारतीय व्यक्तिंचो जल्म एक तर गोंयांत जाला वा तांचे मुळ  ह्या सोबीत भुंयेकडेन जोडील्ले आसा. अशां नामवंतांमदी संगीत क्षेत्रात भारत रत्न लता मंगेशकर, पद्मविभूशण आशा भोसले, रेमो फर्नांडिस हांचो आस्पाव आसा. विज्ञान आनी संशोधन क्षेत्रात पद्मविभूशण रघुनाथ अनंत माशेलकर, अनिल काकोडकर आनी फॅशन मळार पद्मश्री वॅंडेल रॉड्रिग्स हांचो आस्पाव आसा.

गोंय मुक्ति चळवळीतल्या योगदानात पेडणे तालुक्याचो म्हत्वाचो वाटो आसा. तशेंच पेडणे तालुक्यात भाऊ दाजी लाड, जीवबा दादा केरकर, अंजनीबाई मालपेकर, श्रीधर पार्सेकर, प्रभाकर पणशिकर अशें नामवंत  जल्मलें, अशें उपराष्ट्रपतीन म्हणलें.

राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी नवीन राष्ट्रीय शिक्षण धोरण 2020 च्या अंमलबजावणी वरवीं शिक्षणाच्या मळार व्हड बदल जातलो, अशें सांगून शिक्षण पद्दतीविशीं ही दीर्घ काळाची मागणी आशिल्ल्याचें म्हणलें.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आपल्या भाशणात शिक्षणीक साधनसुविधां बाबतीत गोंय सदाच फुडें आशिल्ल्याचे सांगलें. शिक्षणाच्या मळार गोंयांत उत्कृश्ट साधनसुविधां आसात. आयज संत सोहिरोबानाथ आंबिये कला आनी वाणिज्य म्हाविद्यालयाच्या प्रकल्पात उत्कृश्ट साधनसुविधां उपलब्ध जाल्यात ही पेडणेकारांखातीर अभिमानाची गजाल आसा अशें सांगून मुख्यमंत्र्यान वाणिज्य शाखेत क्लस्टर रिसर्च सेंटर सूरू केल्ले खातीर म्हाविद्यालयाची तोखणाय केली. तशेंच उच्च शिक्षण संचालनालयांन सुरू केल्ल्या दिश्टावो कार्यक्रमाचीय तुस्त केली.

केंद्रीय पर्यटन राज्यमंत्री श्री. श्रीपाद नाईक हांणीय राज्य सरकारान शिक्षणाच्या मळार केल्ल्या प्रगतीची तोखणाय केली.

उपमुख्यमंत्री श्री. मनोहर आजगांवकर हांणी येवकाराचे उलवप केले. मुख्य सचीव श्री. परिमल राय हांणी निमाणे उपकार मानले. श्रीमती सिध्दी उपाध्ये हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केलें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/900

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji